**राजभवनान जम्मू, काश्मीर आनी लडाख स्थापणूक  दीस मनयलो**

ता. 1 नोव्हेंबर 2023

गोंय राजभवनान आयज पोरण्या दरबार हॉलात आयोजीत कार्यक्रमात विवीध रंगयाळ्या सांस्कृतिक कार्यक्रमांचे सादरीकरण करून जम्मू, काश्मीर आनी लडाख स्थापणूक  दीस मनयलो. कार्यक्रमाक राज्यपाल श्री. पी.एस.श्रीधरन पिल्लई उपस्थित आशिल्लें.

देशभरात 'एक भारत श्रेश्ठ भारत' ह्या संकल्पनेतल्यान  स्थापणूक दीस मनयतात.

श्रीमती रीता श्रीधरन हांचीय ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली.

ह्या वेळार उलयताना गोंयचे  राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी जग हे आमचें कुटुंब आशिल्ल्याचें सांगून सगळ्यांनी एकवटान रावपाचो उलो मारलो. सगळ्यांनी एकवटान आनी मोगान रावन फुडें वचपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी जम्मू, काश्मीर आनी लडाखातल्या लोकांक स्थापणूक दिसाची परबीं भेटोवन ह्या वाठारांतल्या लोकांमदी भरपूर तांक आनी प्रतिभा आशिल्ल्याचें सांगलें. सुरवातीक राज्यपालांचे सचीव श्री एम आर एम राव कार्यक्रमाक उपस्थित मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री संदेश गडकरी हांणी कार्यक्रमाचे  सूत्रसंचालन केले जाल्यार  श्रीमती श्रेया गुरव हांणी उपकार  मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/856

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity, Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.